29th August 2025 सकाळी - 8.40

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज टोकियोंत जावपी पंदराव्या, भारत-जपान वर्सुकी शिखर सभेत वाटेकर जातले.

- सरकारान कापसावेली आयात शुल्क सवलत, ३० सप्टेंबर २०२५ पासून, ३१ डिसेंबर २०२५ मेरेन, वाडोवपाचो निर्णय घेतला.

- आयज राश्ट्रीय खेळां दीस. दर वर्सा 29 ऑगस्टाक हो दीस, महान हॉकीपटू मेजर ध्यानचंद हाच्या जयंती निमतान मनयतात.

- पॅरिसांत जावपी संवसारीक बॅडमिंटन सर्तींत, दादल्यांची जोडी सत्विकसैराज रँकिरेड्डी आनी चिराग शेट्टी, बायलांची एकोडी स्टार पीव्ही सिंधू हांणी, क्वार्टर फायनलींत पावलं घाला.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, मध्य महाराष्ट्र आनी उत्तराखंडात एकसुरे सुवातेर, घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

पीएम - 60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज टोकियोंत जावपी पंदराव्या, भारत-जपान वर्सुकी शिखर सभेक हाजीर रावपाचे आसात. प्रधानमंत्री मोदी आयज सकाळीं जपानाच्या दोन दिसांच्या अधिकृत भेटेर टोकियोत पावले. जपानचे प्रधानमंत्री शिगेरू इशिबा हांच्या आमंत्रणावेल्यान प्रधानमंत्री मोदी जपान भेटेर गेल्यात. ह्या शिखर सभेंत, दोनूय फुडारी द्विपक्षीय संबंदांचो नियाळ घेतले आनी फाटल्या 11 वर्सांत, स्थिरपणान वाडिल्ल्या खाशेल्या रणनिती आनी जागतीक भागीदारीक मुखार व्हरपाचे मार्गांचेर, चर्चा करतले.

पीएम ऑन चीन जपान - 160

मजगती, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी, जपान आणि चीनच्या तांच्या भेटींत, राष्ट्रीय हितसंबंध आणि प्राधान्यक्रम अधिक दृढ जातले, अशे म्हळां. प्रादेशिक तशेच जागतिक शांतता, सुरक्षा आणि शाश्वत विकासाक चालना दिवपाक फलदायी सहकार्य निर्माण करपाक हातभार लागतलो, असो विश्वास व्यक्त केला. १५व्या वर्सुकी शिखर परिषदेखातीर जपानाक वचचे आदी, निवेदनात, मोदी हाणी म्हणले की, भारत-जपान विशेष धोरणात्मक आणि जागतिक भागीदारीतल्या मुखावेल्या पावंड्याक आकार दिवपाचेर लक्ष केंद्रित करतले. जपानचे प्रधानमंत्री शिगेरू इशिबा हांचेकडेन सहकार्याक, नवीन पाखां दिवपाक, भारत-जपान आर्थिक आणि गुंतवणूक संबंध वाडोवप तशेच एआय आणि सेमीकंडक्टर सयत उदयोन्मुख तंत्रज्ञानात, सहकार्य वाडोवपाचो यत्न करतले, अशे तांणी सांगले. ही भेट दोनुय देशांच्या लोकांक जोडपी, सांस्कृतिक संबंध मजबूत करपाची संधी, आसतली. जपान सावन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, राष्ट्राध्यक्ष शी जिनपिंग यांच्या निमंत्रणावेल्यान, तियान-जिनात जावपी शांघाय सहकार्य संघटनेच्या शिखर परिषदेत वाटेकर जावपाक चीनाक, वतले.

मनसुख मांडविया- 60

केंद्रीय कामगार आणि रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया हाणी, सौदी अरेबियाचे मानव संसाधन आणि सामाजिक विकास मंत्री, अहमद - बिन - सुलेमान अल-राजी हांचेकडे संवाद साधलो. सोशल मीडिया पोस्टत डॉ. मांडविया हाणी म्हणले की, तांणी भारत आणि सौदी अरेबियातली, कामगार गतिशीलता वा कुशळतायेची परस्पर ओळख आणि स्थलांतरित कामगाराखातीर, सामाजिक संरक्षण चौकट मजबूत करप हाचेर, विचारांची देवाणघेवाण केली.

PMJDY – 150

प्रधानमंत्री जनधन येवजणेक ११ वर्सां पुराय जाली. ही जगातली सगळ्यांत मोठ्या आर्थिक समावेशन उपक्रमांपैकी एक आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, 15 ऑगस्ट 2014 दिसा, लाल किल्ल्याच्या प्राकारांतल्यान ह्या उपक्रमाची घोषणा केली.

(Byte – Aman Anupam )

ह्या निमतान केंद्रीय अर्थ आनी कॉर्पोरेट वेव्हार मंत्री  निर्मला सीतारमण हांणी, आपल्या संदेशांत म्हळां, कि हि येवजण प्रत्यक्ष लाभ हस्तांतरणचो उपेग करून, रिण सुविधा, सामाजिक सुरक्षा प्रदान करपाक आनी बचत आनी गुंतवणूक वाडोवपाखातीर, प्रमुख माध्यमा पैकी एक आसा. फाटल्या 11 वर्सांत 56 कोटी मायज जनधन खातीं उक्तीं जाल्यांत, तातूंत वट्ट 2.68 लाख कोटी रुपया जमा जाल्यात. 38 कोटी वयर फुकट रुपे कार्ड जारी केल्यात, जाका लागून डिजिटल वेव्हाराक चालना मेळ्ळ्या, अशे मंत्री सीतारामन हिने मुखार म्हळें.

कापूस - 50

सरकारान कापसावेली आयात शुल्क सवलत, ३० सप्टेंबर २०२५ पासून, ३१ डिसेंबर २०२५ मेरेन, वाडोवपाचो निर्णय घेतला. आकाशवाणीकडे उलयताना, भारतीय वस्त्रोद्योग महासंघची महा सचिव, चंद्रिमा चॅटर्जी हाणी म्हणले की, सरकारच्या निर्णयान, भारतीय वस्त्रोद्योगाक थाकाय मेळल्या . या मुदत वाढीन उद्योगांक कापूस खरेदीखातीर, नवीन ऑर्डर दिवपाक मदत जातली.

बिहार - 100

बिहारात काँग्रेसचे ज्येष्ठ फुडारी राहुल गांधी हाणी, सीतामढी आणि मोतिहारी हांगा मतदार अधिकार यात्रा काढली. प्रचाराच्या बाराव्या दिसा बिहारात सुरू आशिल्या, विशेष सघन सुधारणा मोहिमेक विरोध केलो. राष्ट्रीय जनता दलाचे फुडारी तेजस्वी प्रसाद यादव, सीपीआय-एमएलचे सरचिटणीस दीपांकर भट्टाचार्य आणि विकासशील इंसान पक्षाचे अध्यक्ष मुकेश सहानी हांच्या सयत हेर फुडारी या कार्यक्रमाक उपस्थित आशिले. मजगती, दरभंगा हांगा राहुल गांधीं हांच्या प्रचारात प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांच्या आड, कथित अपमानजनक टिप्पणी केल्याबद्दल भाजप फुडाऱ्यांनी, पाटणात एफआयआर दाखल केली. भाजपचे ज्येष्ठ फुडारी  आणि उपमुख्यमंत्री सम्राट चौधरी हाणी म्हणले की, राज्यातल्या जनतेन काँग्रेस आणि

राष्ट्रीय जनता दलाक, पयलीच नाकारला  आणि वेचणुकेत ते तांका धडो शिकयतले.

**BREAK**

Teacher Count - 80

२०२४-२५ या शैक्षणिक वर्षांत, देशातल्या शिक्षकांची एकूण संख्या पयलेच फावट एक कोटीच्या मुखार गेल्या. भारतात शालेय शिक्षणावेल्या युनिफाइड डिस्ट्रिक्ट इन्फॉर्मेशन सिस्टम फॉर एज्युकेशन प्लस, या शिक्षण मंत्रालयाच्या अहवालात हे उघड जाला. अहवाला प्रमाण २०२२-२३ च्या याच कालावधीच्या तुलनेत ही वाढ, ६.७ टक्क्यांनी चड आसा. मजगती , भारतात सध्या जवळजवळ १५ लाख शाळा आसात. सुमार ५० टक्के विद्यार्थी सरकारी शाळांनी उपरांत, ४१ टक्के खाजगी शाळांनी आणि उरिल्ले, सरकारी अनुदानित शाळांनी आसात. शिवाय, बायलांचे प्रतिनिधित्वय वाडला. ५४.३ टक्क्यां परस अधिक शालेय शिक्षक बायला आसात.

RSS - 90

राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाचे मुखेली मोहन भागवत हनी सांगले की, संघ आणि भाजपामदी कसलोच वाद ना. संघ खंयच्याय मुद्द्यार सल्लो दिवंक शकता, पुण निमणो निर्णय भाजप घेतलो. नवी दिल्लीत माध्यमांकडे उलयताना तांणी सांगले की, केंद्रातल्या नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला, भाजप सरकारकडे संघाचो बरो समन्वय आसा.  भाजप आणि संघाचे मतभेद असू शकतात, पुण तांची उद्दिष्ट सुसंगत आसात. भाजप संघाच्या निर्देशांप्रमाण काम करता, या विरोधकांच्या आरोपांक भायरायत, भागवत हाणी म्हणले की, संघ फक्त सूचना दिता, पण सरकारी कामकाजात  हस्तक्षेप करीना. निर्णय घेवप हो पक्षाचो विशेषाधिकार आसा, हाचेर तांणी भर दिलो.

Scindia Meet -  50

हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड आणि जम्मू आणि काश्मीरातल्या हुंवाररग्रस्त भागात मोबाईल कनेक्टिव्हिटी पुनर्संचयित करपा विशी दूरसंचार मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया यांच्या अध्यक्षतेखाला उच्चस्तरीय नियाळ बसका झाली. मंत्री सिंधिया हाणी सगळ्या बाधित भागात, जम्मूच्या दोडा आणि उधमपूर जिल्ह्यांत, सेवा पूर्ववत करपाक बेगोबेग कारवाय करपाचे निर्देश दिल्यात.

मनसुख फुटबॉल - 60

केंद्रीय युवा व्यवहार आणि खेळा मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया यांनी नवी दिल्लीत मोहालीतल्या मिनर्व्हा अकादमी फुटबॉल क्लबच्या तारणाट्या फुटबॉलपटूंचो भौमान केलो. फुटबॉलपटूंकडे संवाद साधताना डॉ. मांडविया हाणी म्हणले की, आंतरराष्ट्रीय क्षेत्रात अधिक गौरव मेळोवपाच्या देशाच्या प्रयत्नात, भारतीय फुटबॉला खातीर ही एक नवीन सुरुवात आसा. मंत्र्यांनी तरणाट्या खेळगड्यांक जय जय सहभागी जातले, थय थय 'राष्ट्र पयली' हे लक्षात दवरपाचे आवाहन केले.

Sports Day - 60

आयज राश्ट्रीय खेळां दीस. दर वर्सा 29 ऑगस्टाक हो दीस, महान हॉकीपटू मेजर ध्यानचंद हाच्या जयंती निमतान  मनयतात. राष्ट्रीय खेळां दीस, २०२५चो विशय "शांततापूर्ण आणि समावेशक समाजांक प्रोत्साहन दिवपाखातीर  खेळ" हो आसा. खेळां आडमेळीं कशीं मोडूंक शकतात, संघटनात्मक वावर कसो वाडोवंक शकतात आनी प्रदेश, धर्म वा फाटभूंय हांच्या फरकां पलतडी वचून, लोकांक कशे एकठांय हाडूंक शकतात, ह्या विशयाचेर भर दिला.

बॅडमिंटन 100

संवसारीक सर्तींत पॅरिसांत जावपी दादल्यांची जोडी सत्विकसैराज रँकिरेड्डी आनी चिराग शेट्टी, बायलांचो एकोडी स्टार पीव्ही सिंधू आनी मिक्स डबल्स जोडी ध्रुव कपिल आनी तनिशा क्रास्टो हांणी क्वार्टर फायनलींत प्रवेश केला. रँकिरेडी आनी शेट्टी हांणी ऑलिंपिकांत रुप्या पदक जिखपी लिआंग व्हायकेंग आनी चीनाच्या

वांग चांग हांकां सोळाव्या फेरयेंतल्या रोमांचक मॅचींत हारयले. पीव्ही सिंधुन संवसारीक दुसर्या क्रमांकाचेर चीनाच्या वांग झीयीक सरळ खेळांत हारयले . उपांत्य फेरयेंत आयज तिचो खेळ  इंडोनेशियन पुत्री कुसुमा वर्दानी हांचे आड  जातलो. काल ताचे आदीं कपिल आनी क्रास्टो हांणी दोन फावटीं संवसारीक सर्तीत पदक जिखपी तांग चुन मान आनी त्से यिंग सुएट हांकां 21-11, 21-16 अशी हार  घालून क्वार्टर फायनलींत प्रवेश केलो.

हवामान – 100

भारतीय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, मध्य महाराष्ट्र आनी उत्तराखंडात एकसुरे सुवातेर, पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्यान गुजरात, कर्नाटक, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय, मध्य प्रदेश, अस्तंत बंगाल, सिक्किम, तेलंगणा आनी विदर्भा वाठारांत व्हड पावस पडपाचोय, अदमास उक्तायला. ईशान्य भारतात लेगीत अशीच परिस्थिती निर्माण जावपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, वायव्य भारतांत उदेंत राजस्थान, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश आनी पंजाब वाठारांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास आसा. हवामान खात्याचे वरिश्ठ शास्त्रज्ञ डॉ आर. के. जेनमनी हांणी आकाशवाणीक दिल्ले खाशेले मुलाखतींत, जम्मू-काश्मीर आनी हिमाचल प्रदेशांत पावस उणो जाला, अशें सांगलें. हाका लागून हुंवार पिडित राज्यांक थाकाय मेळूं येता, अशें तांणी सांगलें.

(BYTE – Jenamani)

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज टोकियोंत जावपी पंदराव्या, भारत-जपान वर्सुकी शिखर सभेत वाटेकर जातले.

- सरकारान कापसावेली आयात शुल्क सवलत, ३० सप्टेंबर २०२५ पासून, ३१ डिसेंबर २०२५ मेरेन, वाडोवपाचो निर्णय घेतला.

- आयज राश्ट्रीय खेळां दीस. दर वर्सा 29 ऑगस्टाक हो दीस, महान हॉकीपटू मेजर ध्यानचंद हाच्या जयंती निमतान  मनयतात.

- पॅरिसांत जावपी संवसारीक बॅडमिंटन सर्तींत, दादल्यांची जोडी सत्विकसैराज रँकिरेड्डी आनी चिराग शेट्टी, बायलांची एकोडी स्टार पीव्ही सिंधू हांणी, क्वार्टर फायनलींत पावलं घाला.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेश, मध्य महाराष्ट्र आनी उत्तराखंडात एकसुरे सुवातेर, घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार